**गोंय गृहनिर्माण मंडळाचे फ्लॅट, दुकानांची ऑनलायन अर्जां वरवीं पावणी**

ता. 20 जानेवारी 2021

गोंय गृहनिर्माण मंडळान बोर्डे दिवचल, रूमडामळ दवर्ली, पर्वरी आनी बायणा वास्को हांगा तयार आशिल्ले फ्लॅट आनी दुकानां ई- पावणी वरवीं विकपा खातीर इत्सुक आनी उत्पन्न मर्यादेत येवपी लोकांकडल्यान ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. बोर्डे दिवचल हांगा 18 डबल आनी 12 सिंगल बॅडरूम फ्लॅट 32,000/- रूपया प्रती चौ. मिटर दरान, , रूमडामळ दवर्ली हांगा 19 डबल बॅडरूम फ्लॅट 45,000/- रूपया प्रती चौ. मिटर दरान आनी सॅक्टर डी पर्वरी हांगा 6 डबल बॅडरूम फ्लॅट 48,978/- रूपया प्रती चौ. मिटर दरान उपलब्ध आसात. जाल्यार बोर्डे दिवचल हांगा 4 दुकांना आनी रूमडामळ दवर्ली हांगा 7 दुकांना 70,000/- रूपया प्रती चौ. मिटर दरान आनी बायणा वास्को हांगा 8 दुकांना 80,000/- रूपया प्रती चौ. मिटर दरान उपलब्ध आसात.

अर्जदार भारतीय नागरीक वा विदेशी भारतीय नागरीक आसपाक जाय आनी 19 डिसेंबर 1961 पयली गोंयांत जल्मल्लो आसपाक जाय वा गोंयात रावपी पालकांचो भुरगो आसपाक जाय वा गोंयांत जल्मल्लो आनी फाटली 30 वर्सां सतत गोंयांत रावपीआसपाक जाय. अर्ज करपा वेळार पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण जाल्ली आसपाक जाय.

तशेंच अनुसुचीत जाती आनी स्वातंत्र्य सैनिकां खातीर प्रत्येकी 1 टक्के , अनुसुचीत जमाती आनी आदले सैनिकां खातीर 2 टक्के, इतर मागास वर्ग आनी अपंगांखातीर 5 टक्के आनी संबंदीत पंचायत/नगरपालिका वाठारांतल्या थळाव्या व्यक्तीक 30 टक्के राखीवता आसतली.

सिंगल बॅडरूम फ्लॅटाखातीर 2,16,000/- ते 4,80,000 रूपया, डबल बॅडरूम फ्लॅटाखातीर 4,80,000 रूपया ते 7,20,000/- रूपया आनी दुकानांखातीर 7,20,000/-रूपया आनी त्या वयली वर्सुकीं उत्पन्न् मर्यादा आसा.

अर्जदारांनी आपले अर्ज www.goaonline.gov.in ह्या वेबसायटीचेर ता. 12 फेब्रुवारी 2021 मेरेन धाडपाक जाय. चड म्हायती खातीर मंडळाच्या https://ghb.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/92

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity